# काँक्रीट टेक्नोलॉजीवयल्या कार्यशाळेचे उक्तावण

ता. 20 जून 2017

30 ज्येष्ठ 1939

फातोड्डेच्या डॉनबॉस्को अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या सिव्हील इंजिनियरींग विभागान आयोजित केल्ल्या काँक्रीट टेक्नोलॉजीतली प्रगती वयल्या एका सप्तकाच्या कार्यशाळेचे उक्तावण दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी श्री. स्वप्नील नाईक हांचे हस्तूकीं जाले. भारतीय अभियांत्रिकी मंडळान मान्यताय दिल्ली ही राज्यात आयोजित जावपी पयली कार्यशाळा आसा.

ह्या वेळार डॉनबॉस्कोचे रेक्टर फा. पॉल डिसौझा, डॉनबॉस्को अभियांत्रिकी महाविद्यालयाचे संचालक फा. किनले डिक्रुज, प्राचार्य डॉ. निना एस. पी. पाणंदीकर, प्रो. सत्येश काकोडकर आनी प्रो. स्टॅरिन डायस उपस्थीत आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. स्वप्नील नाईक हांणी ह्या कार्यशाळेक भारतीय अभियांत्रिकी मंडळाची मान्यताय मेळील्ल्यान ही कार्यशाळा अभियांत्रिकी मळावयलो एक म्हत्वाचो कार्यक्रम आसा आनी ही कार्यशाळा यशस्वी जातली, अशें सांगले. फाटल्या 50 वर्साच्या काळात काँक्रीट तंत्रज्ञानात खुप प्रगती जाल्ल्याचेय तांणी म्हटले.

प्राचार्य डॉ. निना पाणंदीकर हांणी येवकाराच्या उलोवपात महाविद्यालयात फुडल्या डिसेंबर म्हयन्यात संगणक अभियांत्रिकीचेर आंतरराष्ट्रीय परिशदेचे आयोजन करतले म्हणपाचे सांगले.

नॅशनल इन्स्टीट्यूट ऑफ टॅक्नोलॉजी कर्नाटकचे प्रोफेसर डॉ. सुभाष यारगल, डीन डॉ. मुत्तूर नरसिंम्हा हांणी कार्यशाळेत काँक्रीट बांदकाम आनी इको फ्रँडली साहित्याचो वापर विशयाचेर उलवप केले.

ह्या कार्यशाळेत देशभरातल्यान 55 प्रतिनिधी सहभागी जाल्यात. नादीया बारको हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. प्रो. स्टॅरिन डायस हांणी निमणे उपकार मानले.